**मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं संगणक अभियांत्रिकी शाखेच्या विस्तार इमारतीचें उक्तावण**

**कॅरियर मार्गदर्शन, प्रशिक्षण आनी प्लेसमेन्ट कार्यालय इमारतीची बुन्याद**

ता. 21 जानेवारी 2021

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज फर्मागुडी फोंडेच्या गोंय अभियांत्रिकी महाविद्यालयाच्या संगणक अभियांत्रिकी शाखेच्या विस्तार इमारतीचे उक्तावण केले. तशेंच कॅरियर मार्गदर्शन, प्रशिक्षण आनी प्लेसमेन्ट कार्यालय इमारतीची बुन्याद घातली.

सुवाळ्याक कला आनी संस्कृती मंत्री श्री. गोविंद गावडे आनी भौशीक बांदकाममंत्री श्री. दिपक पाऊसकर हाजिर आशिल्ले.

ह्या वेळार उलयताना मुख्यमंत्र्यान अभियंत्यांनी इनोव्हेशन आनी उपाय काडपाच्या कामाचेर भर दिवपाक सांगले. आयज अभियांत्रिकीं पदवी शिकप पुर्ण केल्ल्या खंयच्याय युवकाकडल्यान रिसर्च, इनोव्हेशन आनी उपाय ह्या गजालींची अपेक्षा करतात. आयच्या युवकांनी रोजगाराविशींची भावना बदलपाक जाय, कारण रोजगार मेळप कठीण जाल्ले आसा. त्याखातीर युवकांनी आपरोजगार सुरू करपा कडेन लक्ष दिवपाक जाय. एक उद्देजक जावन बेरोजगारांक रोजगार दिवचो. कसल्याय समस्येचेर उपाय काडपाची जबाबदारी स्विकारपाची तयारी दवरची, अशें तांणी सांगले.

फुडें उलयताना मुख्यमंत्र्यान म्हणले, गोंय अभियांत्रिकी महाविद्यालयान राज्यांक हुशार इंजिनियर दिल्यात. हांव महाविद्यालयाचे शिक्षक आनी विद्यार्थ्यांचे अभिनंदन करता. आयचो विद्यार्थी हो फाल्याचो इंजिनियर आनी तीणे वा ताणे शाश्वत सोपेपणा निर्माण करपाचेर भर दिवपाक जाय. भायर आमकां अनेक संदी रावतात. तुमच्या कुशळटायेचो उपेग करून घेवपाक कॅरियर मार्गदर्शन, प्रशिक्षण आनी प्लेसमेन्ट कार्यालय सुविधा उपयुक्त थारतले. तुमी तुमचो उज्वल फुडार घडोवपा खातीर ताचो योग्य उपेग करून घेवचो, अशेंय तांणी सांगले.

उज्वल फुडारा खातीर विद्यार्थ्यांक घडोवप ही न्हय फकत शिक्षकांची जबाबदारी, जाल्यार विद्यार्थ्यांनीय त्याखातीर परिश्रम घेवपाक जाय. योग्य कॅरियर मार्ग निवडप हे आयज आव्हान जावन आसा. ते खातीर कॅरियर मार्गदर्शन, प्रशिक्षण आनी प्लेसमेन्ट कार्यालय सुविधा विद्यार्थ्यांक बरी कॅरियर संद मेळोवन दिवपाक उपेगी थारतली, अशें कला आनी संस्कृती मंत्री श्री. गोविंद गावडे हांणी म्हणले.

भौशीक बांदकाममंत्री श्री. दिपक पाऊसकर हांणी शिक्षणीक साधनसुविधां उपलब्ध करपाक सरकाराचे सदाच प्राधान्य आसता, अशें सांगले. नवीन बांदिल्ल्या जोड इमारतीत सगळ्यो आवश्यक सुविधा उपलब्ध करतले, अशेंय तांणी सांगले.

तांत्रिकी शिक्षण संचालक श्री. विवेक कामत हांचेय ह्या वेळार उलवप जाले.

ह्या वेळार मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं कोवीड म्हामारीच्या काळात ऑनलायन प्रवेश प्रक्रियेखातीर वेबसायट तयार करपाक आदार केल्ले सलील नाईक, कृष्णा बिरादर आनी आमोणकर ह्या तीन विद्यार्थ्यांचो गौरव केलो.

संगणक अभियांत्रिकी शाखेच्या जोड इमारतीत तळमजल्यार ९० बसकांच्या तांकीचे सेमिनार हॉल, एमई विद्यार्थ्यांखातीर तीन वर्ग, आनी चलयांखातीर कॉमन रूम आसा. पयल्या माळ्यार संगणक प्रयोगशाळा, मिटिंग रूम आनी शिक्षकांक कॅबीन जाल्यार दुसऱ्या माळ्यार ९० विद्यार्थ्यांक बसपाच्या ताकीचे तीन वर्ग आनी ट्युटोरियल रूम आसा. कॅरियर मार्गदर्शन, प्रशिक्षण आनी प्लेसमेन्ट कार्यालय इमारती खातीर राष्ट्रीय उच्च शिक्षण अभियानाखाला निधी दिला.

गोंय अभियांत्रिकी महाविद्यालयाचे प्राचार्य डॉ. एम. एस. कृपाशंकर हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. पुर्ती सावर्डेकर हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

राष्ट्रीय उच्च शिक्षण अभियानाचे संस्था समन्वयक डॉ. सुरज राणे हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/९७

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji